आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरो

**04**.06.2025 7.20**PM**

मुखेल खबरो

- 19 **december** 2025 वन हक्क कायद्याप्रमाण जमनीच्यो सनदी दीवपाची प्रक्रीया पुराय जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या
- गोयात दिव्यांगाच्या सशक्तीकरणाक लागून सरकार एक पायरि मुखार सरला अशे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी म्हणला
- गोंयात टॅक्सी अपा विशी चलील्या वादाचेर 20 जुना उपरांत किते कारवाय करप ते वीशी थारयतले अशे **All goa pvt. taxi operators association** चे अध्यक्ष चेतन कामत हांणी म्हणला
- दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी न्यायालयात महसुली प्रकरणांची वाडती वळेरी लक्षात घेवन प्रलंबित दावे बेगीन सोडोवपाखातीर दर सोमारा सकाळीं खाशेल्या न्यायालयांत सुनावणी घेवपाचो आदेश जारी केला.

रश्मि 135

**19 december 2025** वन हक्क कायद्याप्रमाण जमनीच्यो सनदी दीवपाची प्रक्रीया पुराय जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.गोयात आता मेरेन सुमार **10500** अशे अर्ज प्रलंबीत आसात,हातुल्ले सुमार दोन हजार अर्ज निकालात किडल्यात ,जाल्यार उरील्ले सुमार **8** हजार अर्ज **19** डीसेंबर मेरेन निकालात काडटले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.हे वीशी आयज मुखेलमंत्री सावंत हांणी पर्वरे मंत्रालयात मुखेल सचीव ,महसुल खाते,रान खाते, तशेंच हेर संबंधीत खात्याकडे बसका घेतली.ते उपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार मुखेलमंत्र्यान ही म्हायती दील्या. **Byte** जमनीच्यो सनदी दीवपाच्या फांटभुयेर काणकोण,केपे,सांगे,धारबांदोडा,फोण्या आनी सत्तरी ह्या आदीवासी समाजाची चड लोकसंख्या आशील्ल्या आनी अशी जमनीची प्रकरणा आशील्ल्या म्हालात **14** जुनाक खासा शिबीर घेंवन सनदी संबंधीची प्रक्रीया सुरू करतले. अर्जदारांनी ह्यावेळार आवश्यक कागदपत्रा हाडुन ह्या शीबीराचो लाव घेवन जमनीचे सनद मेळोवपाक फुडाकार घेवचो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.**9** जुनाक फोण्या

एका शासकीय कार्यावळीत **150** जणांक सनदी दीतले अशीय म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या.

महेश 140

गोयात दिव्यांगाच्या सशक्तीकरणाक लागून सरकार एक पायरि मुखार सरला अशे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी आज म्हापशांत "आस्था सेंटर ऑफ एक्सलन्स फॉर दिव्यांगजन्स" ह्या केंद्राचे उक्तावण करताना म्हणले. ह्या सुवाळ्याक सामाजिक न्याय खात्याचे मंत्री सुभाष फळदेसाई, खासदार सदानंद शेट तानवडे, उपसभापती. जोशुआ डिसोझा, दिव्यांग अधिकार आयुक्त गुरुप्रसाद पावसकर, पॅरालिम्पिक पदकविजेती आनी पद्‌मश्री पुरस्कार मेळोवपी दीपा मळीक, आनी आनंद निकेतनचे अध्यक्ष. सिद्‌धेश कोटकर हे मुखेल सोयरे म्हणून उपस्थित आशिले., गोवा सरकार दिव्यांगाच्या कल्याणाक बांधील आसा. स्पीच सेंटर, विशेष बी.एड. कोर्सेस आनी "पर्पल फेस्टिव्हल" ह्या सगळ्या उपक्रमांतलयान एक समावेशक समाज रचपाचो आमचो हेतू स्पष्ट दिसता अशे मुखेलमंत्री उलयले. "पर्पल फेस्टिव्हल ह्या उपक्रमांक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांनी 'मन की बात' त उल्लेख करुन मान्यता दिली, हो आमका गर्वाचो विषय आसा," अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणलें. हे वेळार ताणी "चिरंतन" नांवाचो स्मरणिका प्रसिद्ध केलो आनी दीपा मळीक हांची प्रेरणादायक आत्मकथा "ब्रिंग इट ऑन" हें पुस्तकाचे अनावरण केले .

रश्मि 140

गोंयात टॅक्सी ॲप वीशी सध्या बरोच वाद सुरू आसा.आधुनिकतेची सांगड घालुन गोंया सारख्याा पर्यटन राज्यात **app based taxi** चालीक लावप ही काळाची गरज अशे सरकाराचे म्हणणे आसा,जाल्यार गोंयात **taxi app** सुरू जायत जाल्यार आमच्या वेवसायाचेर हावळ येतली अशे टॅक्सी वेवसायीकांचे म्हणणे. सरकारान चालीक लावपाक येवजील्ले **taxi aggrigator app** च्या मसुद्याक गोंयच्या टॅक्सी वेवसायीकिनी विरोध केला. हो मसुदो सरकारान आमका विस्वासात घेनासतना केला अशे टॅक्सी वेवसाईक म्हणतात .हे वीशी **20** जुना उपरांत फुडे किते कारवाय करप ते वीशी थारयतले अशी म्हायती **All goa pvt. taxi operators association** चे अध्यक्ष चेतन कामत हांणी आकाशवाणी पणजी केद्रांच्या खबराकाराकडे उलयतना म्हणला. **BYTE**

जाल्यार सरकार टॅक्सी वेवसायीकांकडे उलोवन हो प्रस्न सुटावो करतले अशे सरकाराचे म्हणणे. इतलेमजगती गोंयात येवपी पर्यटकांनी गोया सारख्या पर्यटन राज्यात **taxi**

**app** आसप गरजेचे अशी प्रतीक्रीया व्यक्त केल्या.गोयात राती उसरा भौशीक येरादारीची सोय ना, **taxi app** यत जाल्यार सुरक्षित आनी परवडपी मोलात येरादारीची सोय उपलब्धाजातल अशी प्रतीक्रीया पर्यटकांनी व्यक्त केल्या.

सुशांत 140

दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी न्यायालयात महसुली प्रकरणांची वळेरी वाडत आसा. हे लक्षात घेवन प्रलंबित आशिल्ले दावे बेगीन सोडोवपाखातीर दर सोमारा सकाळीं खाशेल्या न्यायालयांत सुनावणी घेवपाचो आदेश आज जारी केला. प्रलंबित आशिल्ली प्रकरणां तीन म्हयन्यात हातावेगळी करची अशी सुचोवणी दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एग्ना क्लीटस हांणी आयज केली. क्लीटस हांणी महसूल आयुक्त आनी उपजिल्होधिकारी हांच्या कार्यालयांत प्रलंबीत आशिल्ल्या महसूल प्रकरणांचो नियाळ घेतलो. दक्षिण गोंयच्या वेगवेगळ्या महसूल न्यायालयां मुखार जायती महसूल प्रकरणां पांच वर्सां परस चड काळ प्रलंबीत आसात अशें दिसून आयलां. कायद्या प्रमाण ह्यो केशी बेगोबेग सुटावयो करपाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें. ते खातीर दक्षिण गोंयांतल्या सगळ्या महसूल आयुक्त आनी उपजिल्होधिकारांच्या पांवड्यार दर सोमारा सकाळीं खाशेली न्यायालयीन अधिवेशन घेवचें. सोमारा सकाळीं अधिवेशनांत पक्षकार आनी तांचे अधिकृत प्रतिनिधी वा वकील सुनावणेक हाजीर रावंक शकनात जाल्यार सगळ्या पक्षांक तांच्या सोयी प्रमाण पर्यायी तारखो दिवच्यो मात ह्या कार्यालयात चलपी नित्याच्यो केशी सदचे प्रमाण चालू आसतल्यो अशें तांणी सांगलें.

सुभाष 110

ज्या विद्यार्थ्यांनी धावी वा इकरावेची परीक्षा गोंय सोडून हेर शालान्त मंडळा कडल्यान दिल्या तांकां गोंयांत इकरावी वा बारावे खातीर प्रवेश जाय आसल्यार गोंय शालान्त मंडळाचें पात्रता प्रमाणपत्र घेवप गरजेचें आसा. हें पात्रता प्रमाणपत्र दिले बगर खंयच्याच विद्यालयान हेर मंडळांच्या विद्यार्थ्यांक प्रवेश दिवचो न्हय, अशें परिपत्रक शालान्त मंडळान जारी केलां. परिपत्रका पयलीं प्रवेश दिल्ल्यान १५ जून पयलीं अशा विद्यार्थ्यांची शालान्त मंडळाकडेन नोंदणी करपाचे निर्देश मंडळान दिल्यात. प्रवेश घेवंक ना जाल्यार विद्यार्थ्यांनी शालान्त मंडळाचे वेबसायटीचेर प्रमाणपत्र तशेंच हेर म्हायती सादर करून ४०० रूपया शुल्क भरून पात्रता प्रमाणपत्र मेळोवप गरजेचें आसा. सगळी म्हायती आनी शुल्क भरल्या उपरांत पात्रता प्रमाणपत्र डावनलोड करप शक्य जातलें. हें प्रमाणपत्र उच्च माध्यमीक विद्यालयाक सादर केले उपरांतूच तांका उच्च माध्यमीक विद्यालयांत प्रवेश मेळप शक्य जातलें.

हवामान 60

वेधशाळेन राज्यात चडशा सुवातीनी पावस पडसपाचो अदमास दिला. पावसाचा दिसानी घेवपी जतनायेविशी खात्यान काय सुचोवनयो दिल्यात. येरादारी विशी दिलो सल्लो पाळात. कमजोर इमारतीत वा ताचे पोंदा वा व्हड झाडा पोंदा रावपाचें टाळात. हुवारग्रस्त सुव्यतिनि वचपाचें टाळात. परतकाक वा हेराक दऱ्यात वचपा पासत आडायात. प्रवास टाळप शक्य ना तरुच भायर सरात आणि पयली येरेदरीची कोयंडीची माहिती घेयात. जतनाय घेयात सुरक्षित रावात

आणि आता खबरो सोपोवचे परत काय मुखेल खबरो

आणि इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. आमचयो मुखवेलयो प्रादेशिक खबरो आयकात सकाळच्या 7.25 मिनिटांचेर. नमस्कार